Panaji राष्ट्रीय खबरो २५.११.२०२६ @ 6.30 pm राजश्री कामत

द्रौपदी

राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू हांणी होमियोपॅथीची विस्वासपात्रताय वाडोवपा खातीर शास्त्रीय संशोधन, पुराव्याचेर आदारिल्लें मूल्यमापन आनी दुयेंतींची सुरक्षीतताय घ□मू□ करपाचो उलो मारला. 2047 मेरेन भारताच्या 'विकसीत भारत' जावपाच्या प्रवासांत भलायकी आनी शिक्षण हे दोन म्हत्वाचे खांबे आसूंक जाय अशें तिणें सांगलें.

ओडिशात आपल्या दोन दिसांच्या दौऱ्याच्या निमण्या दिसा भुवनेश्वरात 'डॉ. अभिन्न चंद्र होमिओपॅथिक मेडिकल कॉलेज अँड हॉस्पि□ल'त आयोजित 'होमिओपॅथीवेल्या राष्ट्रीय वैज्ञानिक परिषदेत उलयताना बहुकेंद्रीत क्लिनीकल चांचण्यो, पद्दतशीर संशोधन, पारदर्शक अहवाल आनी वैजकी संस्थां मदीं सहकार्य वाडोवपाचो उलो तिणें मारलो कृत्रिम बुध्दी (एआय), डिजि□ल भलायकी तंत्रगिन्यान आनी आधुनीक संशोधन हांची परिवर्तनकारी भुमिका अधोरेखित करून तिणें होमियोपॅथी संस्थांक तंत्रीक उदरगत आनी समकालीन शिकोवपाच्यो पद्दती आपणावंक प्रोत्साहन दिलें.

इफ्फी

भारताच्या 57व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रप□ महोत्सवांत "सिनेमाच्या आनंदाचो उत्सव' ह्या संकल्पनेचेर आधारित एका भव्य चित्ररथ संचलनाचे (float parade) आयोजन केला. सांता मोनिका पर्य□न जे□ींकडच्यान ही परेड सुरू जावन कला अकादेमी कडेन वतली. तातूंत रंगीबेरंगी चित्ररथ, उत्साही सांस्कृतीक सादरीकरण आनी गोंयचें गिरेस्त दायज पळोवक मेळतले. महोत्सवाच्या सव्या दिसा भारतीय संगीतातल्या दिग्गज आवाजांच्या दायजाचो उत्सव मनयतात. तेच बरोबर चित्रप□ निर्मितीची कला आनी भाशेची मर्यादा हुंपपाची चित्रप□ माध्यमाची शक्त हेविषीय उजवाड घालता. लता मंगेशकर, आशा भोसले, एस.जानकी ह्या

यांसारख्या दिग्गज गायिकांनी गायिल्लीं गितां आजय खूपशा पीळग्यातल्या संगीतकारांक प्रेरणा दितात अशें फामाद पार्श्वगायिका के. एस. चित्रा यांनी सांगले. गोंयच्या 57व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रप महोत्सवांत 'लता मंगेशकर ॉक: द व्हॉयस दॅ इकोज फॉरएव्हर - इन द मेमोरी ऑफ आशा भोसले अँड एस. जानकी' या विशेष सत्रात ती उलयताली. सुरवेच्या संगीत प्रेरणे विशीं उलयतना चित्रा हांणी सांगलें की आपूण भुरगेपणांत एस.जानकीची नक्कल करताली. लता मंगेशकराचो उगडास करून चित्रा हांणी तांच्या गितांतली भावनीक खोलाय, खास करून भक्तीगीतांचेर भर दिलो.आशा भोसले विशीं उलयतना चित्रा हांणी तांचे बहुमुखी व्यक्तिमत्व आनी गजलां सयत वेगवेगळ्या संगीत प्रकारांचो प्रयोग करपाच्या तांच्या उमेदिचो उल्लेख केलो

गडकरी

दिव्यांग व्यक्तींक आदार दिवप ही समाजीक जापसालदारकी अशें रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. संद, प्रतिष्ठा आनी आत्मनिर्भरतायेचेर आदारिल्ली एक घमू पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाचो उलो तांणी मारला. 'दिव्यांगतेविषयक १३ व्या राष्ट्रीय परिषदे'त उलयताना त्यांनी हे विचार मांडले. जशी कुंबां आपल्या सदस्यांची जतनाय घेतात तशीच समाजानय तीच संवेदनशीलताय दाखोवंक जाय. समाजांतले उपेक्षित घक जातूंत दिव्यांग व्यक्ती, गरीब, बायलो आनी हेर असुरक्षित गांचो आस्पाव जाता, तांकां वेव्हारीक आदार दिवपाची गरज आसा अशें ताणी सांगलें. भारतान फकत 'दान दिवप' वा 'मदत' करपाच्या दृष्कोनाच्या पलतडी वचून व्यावहारिक तेको मेळप आवश्यक आसा अशे ताणी सांगले

वैष्णव

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज 'बांदकाम आनी मुळावी बांदावळ उपकरणां (सीआयई)' उत्पादन पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपा खातीर येवजणेक मान्यताय दिल्या. हे येवजणे खातीर

वट 11 हजार कोी रुपयांची तजवीज केल्या. नवी दिल्लींत मंत्रीमंडळाच्या निर्णयांची म्हायती दितना केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, हे येवजणेचो हेत म्हळ्यार सीआयई आनी ताच्या सु भागांचें देशी उत्पादन वाडोवप, तशेंच देशांत सीआयई खातीर समर्पीत चांचणी सुविधा स्थापन करपव असा . हाका लागून आत्मनिर्भरतायेक चालना मेळली आनी संवसारीक सीआयई बाजारांत भारत म्हत्वाचो घक म्हूण उदेतलो. ही येवजण 'जड उद्देग मंत्रालय' कडल्यान चालीक लायतले अशें तांणी फुडें सांगलें. ही येवजण आठ वर्सां खातीर म्हळ्यार 2026-27 ते 2033-34 मेरेनच्या अर्थीक वर्सा खातीर कार्यरत आसतली.

स्पोर्ट्स

हॉकींत काल रातीं भोपाळांत जाल्ले बायलां आशियाई चॅम्पियन्स ट्रॉफीचे साखळी मॅचींत भारतान चीनाचो 6-2 असो पराभव केलो. आतां भारताचे लक्ष आयज जपान आड जावपी निमाणे ग मॅची कडेन आसतले. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश आनी लक्षद्वीपांत वीज पडपा सयत गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.